# विद्यार्थ्यांनी जिज्ञासू जावचे-नोबेल पुरस्कार विजेत्यांचे सांगणे

ता. 2 फेब्रूवारी 2018

13 माघ 1939

विद्यार्थ्यांनी आपल्या जीणेत जिज्ञासू आसपाक जाय. खंयचेय विज्ञानिक संशोधन यशस्वी करपाखातीर विद्यार्थ्यांमदी सोंसपाची तांक आसप गरजेची आसा, अशें नोबेल पुरस्कार विजेते प्रो. ख्रिस्तीन नुसेलीन वोलार्ड हांणी नोबेल प्राईज सिरीजाच्या दुस-या दिसाच्या विद्यार्थ्यांवांगडा आयोजीत संवाद सत्रात उलयताना सांगले.

शारांनी पालकांकडल्यान आपल्या भुरग्यांचो चड सांबाळ जाता, जाल्यार सैमाच्या सान्निध्यात रावपी भुरगीं निरोगी आसतात. पालकांनी आपल्या भुरग्यांक वैज्ञानिक अपरूपांचो सोद घेवपाक प्रोत्साहन दिवपाक जाय. तांच्या कुशळतायेक उर्बा दिवपाक जाय, अशें मत प्रो. रॉबर्ट हांणी मांडले.

संशोधनाखातीर कित्याची गरज आसता? विद्यार्थ्यांनी केल्ल्या ह्या प्रस्नाचे उत्तर दितना प्रो. वोलार्ड हांणी संशोधन यशस्वी जावपाक सरभोवतणचे वातावरण म्हत्वाचे आशिल्ल्याचे सांगले. ब-या वातावरणात विचारांनी भर पडटा. आपूण स्वता मास्टर जावन संशोधन करपाक जाय. जे कित्ये आपूण करता त्यापासून शिकपाक जाय, अशें तांणी सांगले.

संशोधन क्षेत्रात येवपी विद्यार्थ्यांमदी विज्ञानाची आवड आसपाक जाय, विदेशी विद्यापीठानी वचून वैज्ञानिक ज्ञान वाडोवपाक जाय, पूण कांय काळाउपरांत आपल्या देशात परत येवपाक जाय. भारतात खुप बरी विद्यापीठा आसात, तुमी तुमच्या स्वताच्या साधनसुविधांचो उपेग करपाक जाय, अशें प्रो. रॉबर्ट हांणी सांगले.

स्वतामदी आत्मविश्वास आसल्यार खंचीय गजाल अशक्य अशी ना. ब-यो संकल्पना घेवन मुखार येवपाक जाय. मुळाव्यो गरजो समजून घेवपाक जाय, चडात चड वाचन करपाक जाय, म्हत्वाच्या गजालीक प्राधान्य दिवचे, सर्जनशील जावचे आनी विज्ञानीक संशोधनात आवड निर्माण करची, तेन्नाच तुमी यशस्वी जावपाक शकतले, अशेंय प्रो. वोलार्ड हांणी सांगले.दुस-या एका सत्रात प्रो. सर्जे हॅरोच आनी प्रो. थॉमस लिंडा हांणी वैज्ञानिक संशोधनात यशस्वी जावपाखातीर ब-या विचारांच्या, सहका-यांची गरज आशिल्ल्याचे सांगले. विज्ञानाच्या मळावयल्या शिक्षणाचो दर्जो मजबूत आसपाचीय गरज आसा, अशें तांणी सांगले.